**महात्मा गांधी जयंती कार्यक्रमानिमतान पोरण्या गोंया येरादारीत बदल**

ता. 30 सप्टेंबर 2022

राज्य पांवड्यावयलो राष्ट्रपीता महात्मा गांधी जयंती कार्यक्रम ता. 2 ऑक्टोबर 2022 दिसा सकाळी 8.00 वरांचेर गांधी चौक, पोरणे गोंय हांगा जातलो. ते खातीर उत्तर गोंय जिल्हा न्यायदंडाधिकाऱ्यान 1 आनी 2 ऑक्टोबराक पोरण्या गोंयांत येरादारीत बदल करपाचो आदेश दिला.

1 ऑक्टोबराक सकाळी 10.00 ते 2 ऑक्टोबर दिसा कार्यक्रम सोपमेरेन ओल्ड गोवा मुखेल जंक्शन ते ओल्ड गोवा पुलीस स्टेशनामेरेनचो रस्तो येरादारीक बंद आसतलो. बाणस्तारीच्यान पणजे आनी पणजेच्यान बाणस्तारी यो-वच करपी अवजड वाहनां कदंब पठार बायपास रस्त्यान आनी हेर येरादारी बॉम जिजस बासिलिका चर्चीफाटल्या रस्त्यान वळोवपात येतली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/595

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji